**कोटपा कायद्याची अंमलबजावणी करपा खातीर अंमलबजावणी पंगडाची स्थापना**

ता. 5 जुलय 2022

उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान उत्तर गोंयांत घुंवळी वखदां, सिगारेट आनी हेर तंबाकू उत्पादन प्रतिबंद कायदो 2003 ( वेपार, उत्पादन, पुरवण आनी वितरण आनी जायरात प्रतिबंद) ची कडक अंमलबाजावणी करपा खातीर अंमलबजावणी पंगडाची पुर्नस्थापणूक केल्या.

कोवीडाच्या फाटभुंयेर केंद्रीय भलायकी संशोधन विभागाच्या भारतीय वैजकीय संशोधन मंडळान लोकांक तंबाकू, पान मसाला आनी सुपारी ह्या सारखी उत्पादनां खावन भौशीक जाग्यांचेर थुंकपाक मनाय केल्या.

कर फारीक करीनासतना तंबाकू उत्पादनांचो वेपार करप्यांआड कोटपा कायद्या खाला कारवाय करपाचो आदेश अंमलबजावणी पंगडाक दिला.

अंमलबजावणी पंगडांत मामलेदार, जोड मामलेदार, संबंदीत तालुक्याचे न्यायदंडाधिकारी, संबंदीत पुलीस स्थानकाचे पुलीस उपनिरीक्षक आनी गोवा कॅन/आप वावूरपी संघटनांच्या वांगड्यांचो आसपाव आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/451

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji